Panaji Regional 2nd January 2026 7.25am

रश्मी

गोंयच्या पाच शेतकी पिकावळीक भौगोलिक संकेत (जीआय) टॅगांचे मानांकन मेळ्ळा. हांतुन ताळगांवचे वायंगे, हिलारियो आंबो, कोरगुट तांदुळ, काजुचो मुट्टो,तशेच मुशराद आंब्याचो आसपाव आसा. आजुन मेरेन गोंयच्या १५ वस्तुंक जी. आय मानांकन मेळ्ळा.हया पिकावळींक संबंधित जी. आय टॅग मेळिल्लयान गोयच्या शेतकाराचे कश्टाचे चीज जाला अशे मुखेललमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. स्वयपुर्ण गोंय हो उपक्रम चालीक लायतना गोंयच्य मातयेत पिक घेवपी पिकावळीक जी. आय मानांकन मेळप ही अभिमानाची बाब अशे मुखेलमंत्र्यानम्हळा. गोंयच्या खाशेल्या उत्पादनाची राखण करून आनी मोल वाडोवपाक चालना दिवन, ही जी.आय मान्यताय अर्थीक उदरगत, शेतकी उद्देजकता, आनी ग्रामीण समृध्दींत म्हत्वाची भुमिका करतली, तेच बरोबर गोंयची वळख संवसाराक अभिमानान दाखयतली असो विस्वास मुखेलमंत्र्यान व्यक्त केला.

रश्मी/सुभाष

सराकरी शिरविस करपी कर्मचाऱ्यांनी कामार ड्युटीचेर आसतना आपले कार्यालयीन वळखपत्र गळ्यात घालप सक्तीचे करपाचे निर्देश दिल्यात. सर्विस नेमाप्रमाण तशे करप बंधनकारक थारतले. जर कोणे हो नेम पाळ्ळो ना जाल्यार तांची शिस्तभंगाची कारवाय जावन central civil services rules 1964 प्रमाण कारवाय जातली असो आदेश सराकरान काल जारी केला. गोंयात सुमार ६० हजार सरकारी शिरविस करपी कर्मचारी आसात. मात बऱ्याचशा वेळार कर्मचारी स्वतचे वळकपत्र घालीनासतना काम करतात अशे सराकराच्य नदरेक आयला. प्रशासकीय सेवा दितना सरकारी कर्मचाऱ्यान वळखफत्र घालप पयली पासुन नेमात आसा, मात तरीकय कांय जाण हो नेम पाळीनात. हे फांटभुयेरं शिस्तीचे महत्व लक्षात घेत सराकारन हो आदेश काडला.

Ganesh –

झाडा मारपा खातीरचे नेम आनीक खर करताना जमनीच्या सगळ्या धनयांंची एनओसी घेवप आता बंंधनकारक जाला. गोंंय राना संंवर्धन कायदो 1984च्या कलम 35खाला राना खात्यान आदेश जारी केला. झाडा मारपा खातीर कोणेय अर्ज केलो जाल्यार संंबंंधीत अधिकाऱ्यांंन जमिनीच्या धनयांंची नावा तपासची पडटली. सगळ्या धनयांंची एनओसी घेतल्या उपरांंतूच झाडा मारपा खातीरचो परवानो दिवपाची जापसालदारी अधिकाऱ्याची आसतली. जमीन एका परस चड जाणांंच्या नावार आसल्यार एकल्याची एनओसी उपकारची ना. सगळ्यांंची एनओसी घेतल्या उपरांंतूच परवानो दिवपाचे निर्देश जारी जाल्या. तशेच परवानो दिल्या उपरांंत ताची प्रत राना खात्याच्या संंकेतथळाचेर लोड करची पडटली. तशेच परवान्याची प्रत संंबंंधीत पंंचायत, गट विकास अधिकारी कार्यालय, उपजिल्होधिकारी कार्यालय, राना अधिकारी कार्यालयाक धाडच्यो पडटल्यो. हे विशीची अधिसूचोवणी जारी जाल्या.

रश्मी

लायटीच्या लोडात वाड करीनासतना आदल्या लायटीच्या जोडणेचे points वाडल्या जाल्यार वीज खात्याची कारवाय जाव येता. लायटीची जोडनि घेतना लोड म्हणल्यारुच लायटीची जीतली  भाराची मागणी केल्ली, ताच्या परस जर लायटीचो उपेग जाता , जाल्यार ही कारवाय जातली अशे वीज खात्यान कळीत केला. लोड वाडला जाल्यार संबंधित विभागीय उप-वीज केंद्रात वचुन लोड वाडोवन घेवचे अशे वीज खात्यान कळीत केला.
फ्रिज, गीझर, वोशिंग मशिन तशेचं हेर उपकरणाखातीर चड लायट लागता, मात ह्य लायटीचे पोयण्टंस सुरवेक लायटीचो ग्राहक दाखयना, उपरांत ह्या लायटीच्या पोयण्टांनी वाड जाता. ताका लागुन आपल्या लायटीच्या लोडाप्रमाण वीज जोडणी घेवप ह्यानफुडे सक्तीचे आसतले. जर ह्या नेमाक पाळो दिलो ना जाल्यार मात अशे करपी वीज गिऱ्हायकाचेर कारवाय जातली. घरगुती उपेगाच्य लायटीच्या उपेगाविंशी हो निर्णय महत्वाचो आसा.जर कोणे अशी बेकायदेशीरपणा केली जाल्यार ताका दंड  भरचो पडटलो अशे वीज खात्यान कळीत केला.

रश्मी

गोंय सरकारान मुखेलमंत्री देव दर्शन येवजणेंत दुरुस्ती केल्या. ह्या येवजणेचो लाव आता पिराय 50-70 वर्सां मेरेनच्या गोयच्या नागरीकाकं मेळटलो. ह्यानपयली ह्या येवजणेचो लाव घेवपाक फकत ६० वर्सा पिरायेची मर्यादा आशिल्ली. आता ती ७० केल्या. ह्या येवजणेवरवी पात्र उमेदवाराक ऑनलायन अर्ज करच पडटले, अर्ज फकत ऑनलायन पध्दतीनुच स्विकारतले. तशेच यात्रे खातीर अर्ज करप्यान आपली मानसिक आनी शारीरीक भलायकी घटमुट आसा अशे प्रमाणपत्र सादर करचे पडटले. मुखेलमंत्री देव दर्शन येवजणेंत दुरुस्तीविंशी आयज समाज कल्याण खात्यान अधिसुचोवणी जारी केल्या.

वेदर

गोय वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण काल पणजेत चडांत चड तापमान ३0 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यांत उणें १९ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports –

पणजी जिमखाना मेंबर्स लीगाच्या (पीजीएमएल) पांचव्या आवृत्तीची भव्य सुरवात फाल्यां शेनवारा 3 जानेवारीक पणजी जिमखान्याच्या बांदोडकार क्रिकेट मैदानाचेर जातली. सकाळीं 8.30 वरांचेर उक्तावण सुवाळो जातलो. ते उपरांत पयली मॅच धेंपो चॅलेंजर्स आनी मानस मॅवरिक्स हांचे मदीं जातली.